प्रादेशिक खबरो ३१.०७.२०२५ @ ७.२०

कुठ्ठाळी मतदारसंघातल्या कासावलीच्या मुळाव्या भलायकी केंद्रात कर्मचाऱ्यांचो उणाव कमी करचो, राज्यात धिरयो कायदेशीर करच्यो, उत्ताडार सोडपी गोरवांच्या धनयाआड कडक कारवाय,लाडली लक्ष्मी येवजणेचे अर्ज निकालात काडप अशा साबार विश्याचेर आज विधानसभेत चर्चा जाली

गोवा सरकारच्या कला आणि संस्कृती संचालनालयान माती काम कार्यशाळेचे आयोजन केला

उद्योग, व्यापार आणि वाणिज्य संचालनालय 'एक तालुका एक उत्पादन' उपक्रम सुरू करपाक जनतेकडच्यान सूचना मागयल्यात

रश्मी 300

कुठ्ठाळी मतदारसंघातल्या कासावलीच्या मुळाव्या भलायकी केंद्रात कर्मचाऱ्यांचो उणाव, तशेंच अल्ट्रा सावंड, वा हेर तऱ्हेची गरजेची भलायकीची माखना हाड्ची अशी मागणी कुठ्ठाळेचे आमदार आंन्तोन वाझ केली. दोतोरांचो उणाव आनी हेर भलायकी कर्मचाऱ्यांची बेगोबेग नेमणुक करता.आनीकुय दोतोर सेवेत घेवपाच्या नदरेतल्यान काम सुरु आसा अशी म्हायती मंत्री विश्वजित राणे हांणी दिली.

ज्या भशेन तामिळनाडु राज्यात धिरयो कायदेशीर केल्यात, तेचप्रमाण गोंयांत लेगीत धिरयो सराकरान कायदेशीर करच्यो अशी मागणी मांद्रेचे आमदार जीत आरोलकार हांणी केली. ह्या सुचोवणेक आमदार विजय सरदेसाय, वेन्झी विएगश,डिलायला लोबो, रुदाल्फ फर्नांडीस, रेजिनाल्ड लोरेंन्स, हांणी तेको

दिला.ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी धिरयो कायदेशीर करपाक मेळटा काय ना, ते विशी पळयता अशे सांगले.

उत्ताडार सोडपी गोरवांक लागून अपघाताचे प्रमाण वाडला अशे वेळ्ळीचे आमदार क्रुझ सिल्वा अधिवेशानच्या सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले .

जनावरा सांबाळ खात्याचे मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी हेडग्या गोरवाचो प्रश्न सोडोवपाक पंचायतीकडे कबलात करतले अशे सांगले तर उत्ताडार सोडपी गोरवांच्या धनयाआड कडक कारवाय करतले अशी शिटकावणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

कवचेच्यो बाटल्यो दर्यांदेगेर व्हरपाक दिवच्यो न्हय, जे सोरो विकतात, तांणी सोऱ्याची बाटलेचे डीपोसिट पयशें घेवन ह्यो रित्यो जाल्लयो बाटल्यो परत घेवपाचो नेम पाळीनात, अशें आमदार मायकल लोबो हांणी नदरेक हाडले. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी उपाय येवजण करता अशे अस्वासन सभाघराक दिले. पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी पर्यटन थळा, तशएचं भौशिक सुवातीनी अशी बुरशेपणा करप्यांक 5 हजार ते 50 हजार मेरेन दंड दिंव येता अशी म्हायती दिली.

नितळसाण दवरीनासतना, तशेंच भलायकेक इबाडपी वस्तुचो उपेग करुन खाणाचे जिन्नस ,फास्ट फुड तयार करप्याचेंर अन्न आनी वखदा प्रशासन संचालनालया वतीन कडक कारवाय करची अशी मागणी आमदार रेजिनाल्ड लोररेन्स हांणी केल्या.

असल्या मनशांचे परवाने रद्द केल्यात, तशेच तांचेर कारवाय केल्या आनी ह्या फुडे लेगीत अश्यो कारवाय सुरु उरतल्यो अशी म्हायती मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिल्या.

लाडली लक्ष्मी येवजणेचे जे अर्ज उरल्यात ते पळोवपाक बायल आनी भुरगी खात्याची एक समिती स्थापन करुन हो प्रस्न सुटावो करता तशेंच जांणी एक वर्सा उपरांत उसरा ह्या येवजणचो लाव घेवपाक अर्ज केल्यात तांचेय अर्ज निकालात काडटा अशी जाप बायला आनी भुरगी उदरगत खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी आमदार गोविद गावडे हांच्या प्रसनांक दिली

सुशांत 130

संवसारीक मानव तस्करी प्रतिबंध दिसाचे निमित्त सादून आयज मडगावच्या कारे कायदो विद्यालयाच्या विद्याऱ्थ्यांनी मानव तस्करीचेर आदारित रस्तो नाट्य सादर केले. ह्या नाटकांतल्यान तांणी ह्या तस्करीक बळी पडपी पिडितांची व्यथा मांडताना आमीय मनीस आनी आमकांय जगपाचो अधिकार आसा हे सादर केले. मडगावच्या पोरण्या बस स्टँडाचेर हे रस्तो नाट्य सादर जालें. दक्षिण गोंय जिल्हो कायदो सेवा संघटना मनीस तस्करी विराेधी पुलीस आनी अर्ज ह्या संघटनांच्या जोडपालवान ही कार्यावळ घडोवन हाडिल्ली. अर्ज ह्या संघटनेच्या पालवी संचालक ज्युलियाना लोहार हांणी ह्यावेळार उलयताना, मानव तस्करी विराेधी विधेयक सध्या लोकसभेत प्रलंबित आसा. हे विधेयक पास जाल्यार अशा वेव्हाराक बळी पडपी पिडितांक ताचो फायदो जातलो अशें सांगलें. दक्षिण गोंय जिल्लो कायदो सेवा प्राधिकरणाची न्यायाधिश निलीमा काणकोणकार हांणी कायद्याचे पालन करपाविशी मार्गदर्शन केले. ह्यावेळार मडगावच्या मनीस तस्करी विराेधी विभागाची पुलीस निरीक्षक पुष्पलता बोरकार आनी हेर पुलीस हाजीर आशिल्ले.

DIP 120

गोवा सरकारच्या कला आणि संस्कृती संचालनालयान खादी आणि ग्रामोध्योग मंडळ, सुक्ष्म, लघु आणि मध्यम उध्योग मंत्रालय, राज्य कार्यलयाच्या संयुक्त सहकार्यान ४ ते ६ ऑगस्ट क दनपारा ३.०० ते सांजे ५.३० मेरेन कला दालन

संस्कृती भवन पणजी हांगा  माती काम कार्यशाळेचे आयोजन केला. पारंपारिक मातीकाम कारागिरांक सक्षम करपाच्या उद्देशान खादी आणि ग्रामोध्योग मंडळ कुंभार सशक्तीकरण कार्यक्रम राबयता  या उपक्रमांतर्गत कारागिर तज्ञ प्रशिक्षकांकडच्यान १० दिसांचे प्रशिक्षण दितात. हे प्रशिक्षण यशस्वीपनाण पूराय केल्या उपरांत  कारागिरांक  इलेक्ट्रिक कुंभार काम चक्र दीतात त्याची किंमत सुमार १८ हजार रूपया आसा . ती बीपीएल उमेदवारां खतिर  फुकट , एससी, एसटी उमेदवारांक  १० टक्के योगदान, सामान्य उमेदवारांक  २० टक्के योगदानासयत दीतात ही कार्यशाळा १५ वर्षापेक्षा जास्त वयोगटातील उमेदवारांखतिर  आसा . प्रवेश अर्ज संचालनालयात उपलब्ध आसात.आणि  अर्ज ४ ऑगस्ट मेरेन धाडचे

DIP 80

थळाव्या उद्योगांक  प्रोत्साहन दिवपाक , आर्थिक विकासाची वाढ आणि रोजगाराचयो संधी निर्माण करण्यासाठी उद्योग, व्यापार आणि वाणिज्य संचालनालय 'एक तालुका एक उत्पादन' उपक्रम सुरू करतले.

हा उपक्रम यशस्वी करपाक , उद्योग, व्यापार आणि वाणिज्य संचालनालयान प्रत्येक तालुक्यात प्रोत्साहन दिवपाक अशा संभाव्य उत्पादनांबद्दल जनतेकडच्यान सूचना मागयल्यात.

स्थानिक संसाधना, कुशलताय आणि विशेष अशा तंत्राचा वापर करून त्या उत्पादनांचो  विकास करप हो या उपक्रमाचा उद्देश आसा .

या उपक्रमांतर्गत थळावे नागरिक, उद्योजकांक  त्यांच्या सूचना सादर करपाची विनंती केल्या .सूचना ऑनलाइन  ईमेला वरवी ३० दिसां भीतर दिवचयो

Medhe  90

राष्ट्र सेविका समितीची आदली प्रमुख संचालिका प्रमिला मेढे हांका आज सकाळी नागपुरात मरण आयले. ती ९७ वर्साची आशिल्ली. फाल्या सकाळी नागपुरात

त्यांचेर निमणे संस्कार जातले. राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाचे प्रमुख डॉ. मोहन भागवत हाणी नागपूरमधल्या देवी अहिल्या मंदिरात त्यांका श्रद्धांजली ओपली आणि त्यांच्या मरणाबद्दल शोक व्यक्त केलो माध्यमांकडे उलयताना डॉ. भागवत हाणी म्हणले की, प्रमिला मेढे यांनी ईशान्येकडच्या कठीण परिस्थितीतय समितीखातीर अथक परिश्रम घेतल्यात. मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस आणि केंद्रीय मंत्र्यांनी य सोशल मीडिया पोस्टर शोक व्यक्त केला. प्रमिला मेढे यांनी १९७८ ते २००३ पेरेन राष्ट्र सेविका समितीच्या मुख्य कार्यकारी अधिकारी म्हणून काम केले.

सुभाष 100

भारतीय नौदलान माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक विद्यार्थ्यां खातीर थिंक २५ ह्या नावा खाला क्विझ सर्त घडोवन हाडल्या. नववी ते बारावे मेरेनचे विद्यार्थी हे राष्ट्रीय पांवड्याचे सर्तींत वांटो घेवंक शकतात. गोंय राज्य शिक्षक प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेन गोंयच्या विद्यार्थ्यांक हे सर्तींत वांटो घेवपाचें आवाहन केलां. ही सर्त ऑनलायन आनी ऑफलायन मोडांत जातली. सोळा सर्तक पंगड सर्तीच्या उपांत्य फेरयेंत प्रवेश करतले. क्विझ सर्तीचो निमाणो पांवडो नोव्हेंबर २०२५ वर्सा केरळांतल्या कन्नूर हांगाच्या भारतीय नाविक दळाच्या परिसरांत जातलो आनी ताचे खातीर देशभरांतले आठ सर्तक पंगड वांटो घेतले. गोंय राज्य एस .सी.ई .आर .टी .च्यो संचालक मेघना शेटगांवकार हांणी गोंयच्या विद्यार्थ्यांक हे सर्तींत वांटो घेवचो आनी येश जोंडचे अशें आवाहन केलां.निमणी तारीख 31 ऑगस्ट आसा

सुभाष 100

फर्मागुडी फोंडेंच्या पीईएस महाविद्यालयान राज्यातल्या उच्च माध्यमिक विद्यालयांसाठी अखिल गोवा ' गणित ' सर्त आयोजित केल्या. ही सर्त ११ ऑगस्ट क  फर्मागुडी पीएस महाविद्यालयात जातली. गणित या विशयाचेर पोस्टर तयार करात सर्ती खातीर पायथागोरस - द मॅन बिंहायन्ड द थियरम, पायथागोरिअन ट्रिपलेट्स इन रियल लाइफ आनी द पावर ऑफ राईट ट्रँगल्स अशे तीन विषय आसात. एकपात्री अभिनय सर्तीखातीर - पाय (Pi) : थ्रू टायम् , पाय : इरॅशनल

एट प्राउड आनी हांव गणिताक भिता , तेन्ना म्हाका पाय मेळळा अशें तीन विषय आसात. ५ ऑगस्ट क  मेरेन गुगल ऑनलाइन फॉर्म वरवी प्रवेशिका पीएस महाविद्यालयाच्या आयोजन समितीकडे पावोवच्यो अशें या महाविद्यालयाचे प्राचार्य प्रोफेसर विवेक पिसुर्लेकर हांणी कळीत केला.

स्पोर्ट्स 150

खेळा  आणि युवा व्यवहार संचालनालया वतीन घेतिल्या आंतर उच्च माध्यमिक विद्यालय टेबल टेनिस स्पर्धेत १९ वर्षां सकयलया  चलयाच्या गटात धेंपो उच्च माध्यमिक विद्यालयान विभागीय विजेतेपद पटकायले. अंतिम लढतीत त्यांनी पणजीच्या डॉन बॉस्को उच्च माध्यमिक विद्यालयाक  ३-० असे हारायले. स्पर्धा कांपाल येथील इनडोअर स्टेडियमत  झाली. विजयी संघात श्रेया लाड (कर्णधार), जुही गावस, प्रज्ञा प्रभू या खेळाडूंचा समावेश आशीललो . खात्याचे विभागीय खेळा अधिकारी संजय शिरोडकर, शारीरिक शिक्षण शिक्षक चेतन कवळेकर यांच्या उपस्थितीत बक्षीस वितरण झाले.

ऑफ-रोड मोटरस्पोर्टस स्पर्धेच्या सुरवातीच्या चार टप्प्यात चालक अरुणाचल प्रदेशचो चो उज्जल नामशुम आणि  सहचालक कर्नाटकचो  चेतन चेंगाप्पा या जोडीन वर्चस्व राखले. केपेत  चार पांवडे  झाले. स्पर्धेत एकूण २६ कठीण  टप्पे आसात. या जोडीन स्पेशल स्टेज १-४ या टप्प्यात ४०० पैकी  ३८० गुणांची नोंद केली. दिल्लीच्या बिजेंद्र सिंग आणि  सहचालक गजेंद्र सिंग यांनी ३४९ गुणांसयत दुसरो  क्रमांक मेलयलो . महाराष्ट्राचो  अनिरुद्ध शेटे (सहचालक अमृत कदम) आणि जर्मनीचा एरेक बेनी (सहचालक आरव्ही सिराजुद्दीन) यांनी प्रत्येकी ३२९ गुण नोंदविल्यान त्यांना संयुक्त तिसरा क्रमांक मेळलो

क्रिकेट 30

21 सप्टेंबर सावन सुरू जावपी ऑस्ट्रेलियेच्या मल्टी फॉर्मेट भोंवडेर भारतीय 19 वर्सां सकयल्या पंगडाचें फुडारपण आयुष म्हात्रे करतलो.भारत ऑस्ट्रेलियन 19 वर्सां सकयल्या पंगडा आड तीन एका दिसांचे आनी दोन चार दिसांचे मॅची खेळटलो.

IMD 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 30.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २5.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. हवेतली आर्द्रता 94 टक्के नोंद जालया राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 40 ते 50 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 60 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला